प्रादेशिक खबरो   09.09.2025 @ 7.25 am

डेस्क 60

25 सप्टेमबराक विधानसभेचो नवो सभापती वेचपाक राज्यपालांनी एका दिसाचे खासा अधिवेशन आपयला. हे फाटभुयेर विरोधी पक्ष  आपलो उमेदवार आसतलो काय असो प्रश्न विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हांका पत्रकारांनी केलो.ते वेळार विरोधी पक्षाचो उमेदवार आसतलो आणि ते खातीर विरोधी पक्षाची बसका जावन फाव तो निर्णय घेतले अशे आलेमाव हाणी सांगले

रश्मी 150

सुधारीत  जीएसीटी म्हायती ताचो लाव लोकांक  कसो जातलो ताचे विशी  सोपोपणान कळपी अशा भाशेत  उपलब्ध करुन सर्वसमान्यां मदी जागृताय करची अशे आवाहन मुखेलमंत्री  दोतोर प्रमोद सावंत हांनी केला. राज्यातल्या उद्वेग, पर्यटन, कापड निर्मिती, खण वेवसाय, निर्यात, स्टार्ट -अप  ह्या सगळयांक  सुधारीत  जीएसटीचो लाव जातलो. हे शिवाय लोकांक  लागपी  सदच्या गरजेच्यो वस्तु लेगीत  बऱ्यापैकी  सवाय मोलान उपलब्ध जातलो. ही  सुधारीत  जी.एस.टी  शेतकऱ्याकं  लेगीत उर्बा दिवपी आसा अशे मुखेलंमत्री दोतोर प्रमोद सावंत  हांणी  म्हणला.  ते  गोंवा  चेंबर  ऑफ  कोमर्स  अण्ड  इंडट्री  वतनी  पणजे सुधारीत   जी.एस.टी   विंशी खासा   आयोजित   केल्या   चर्चासत्रावेळार   उलयताले. ह्यावेळार गोवा चेंबर ऑफ कोमर्स अण्ड इंडस्ट्रीची अध्यक्ष प्रतिमा धोंड, गोंय सीजीएसटी चे अयुक्त सरप्रित  सिंग गिल, सीजीएसटीचे उप- आयुक्त जीसीअयचे सचिव  आनी taxation and financial committeeचे अध्यक्ष  रोहन भांडारे,गौरव केंकरे, यतीश वेर्णेकार,  हे मानेस्त हाजीर आशिल्ले.

ह्या सत्रात  सुधारीत  जीएसटीचो वेगेवगळया पावंड्याचेंर जावपी परीणाम, वेगेवगळया मळार  खंयच्य दिखेन तकाम करचे ते विंशी जीएसटी विसीचे एक्शन प्लानाविंशी उलोवप,

तशेंच  सुधारीत जीएसटीविंशी आशील्ले दुबावा सुटावे करपाच्या हेतान चर्चा आनी मार्गदर्शन जाले.

मुर्मू 60

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू यांनी नागरिकाक परत एकदा भारताक जागतिक व्यवसाय आणि ज्ञानाचे केंद्र करपाचे आवाहन केले. ABC आंतर राष्ट्रीय बाजार आनी भारतीय कंपन्या मदी एक सेतू कसो काम करता अशे ताणी म्हणले Byte

जागतिक अस्थिरतेचा राष्ट्रीय अर्थव्यवस्थेर कमीत कमी परिणाम जाणवतलो अश्या आत्मनिर्भर भारताची एक महत्त्वाची परिमाणा आसची, अशेय ताणी म्हळे. आमच्या अर्थ वेव्स्थेत MSME चे योगदान महत्वपूर्ण आणि तोखणायेचे आसा अशे तानी म्हणले. byte

रश्मी 70

हुवार पिडेस्त पंजाब आनी छत्तीसगड ह्या राज्यांक  मदत  करपाच्या हेतान कपडे, तशेंच  उपकरणा, तशेंच हेर गरजेच्या सामानाचो पुरवन करपी दोन ट्रक संबंधित राज्यानी  गोंय सरकारान धाडल्यात. ह्या दोनुय गाडयांक  मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी पर्वरे मंत्रालयात बावटो दाखोवन सामान धाडपाक  परवानगी दिली. हे शिवाय गोंय सरकारान मुखेलमंत्री अर्थिक आधार निधीतल्यान दोन्हुय राज्याक प्रत्येकि पाच कोटी रुपयाची अर्थिक  मजत  केल्या.  ह्या फुडे लेगीत  पंजाब तशेंच  छत्तीसगड ह्या राज्यांक  गोंय सरकार  मजत करतले अशें मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला.

प्रसाद 50

म्हार्दोल हंगाच्या  नायक फुलकार समाजाची 112वी आनी जायांची पुजा आज   म्हार्दोळा श्री म्हालसा देवीच्या सभा मंडपांत मनयतले. अंदूं जायांचया  फुलांनी सजयल्ल्या नौका वाहनांत श्री सत्यनारायण पुजा जातली. श्री सातेरी घुमट आरती मंडळ म्हापसा घुमट आरती सादर करतले आनी उपरांत तीर्थप्रसाद, ब्राह्मण संतरपण जावन उत्सव सोंपतलो अशी म्हायती नाईक फुलकार समाजान दिल्या.

स्पोर्ट्स 85

कुंकळ्ळी युनियनान घडोवन हाडिल्ले पयल्या अखील गोंय मेन्शन हावज कप फुटबोल सर्तींत एफ सी शिवोली पंगडान कुडतरी पंगडाचेर पेनल्टी शुट आवट वरवीं ४/१ गोलानी जैत मेळयता सर्तीचें वस्तादपण जोडले

हवामान  30

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 30.8 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान 25.2  डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात फुडले काय दिस काय वाठरांनी हलको ते मध्यम प्रमाणात पावस पडू येता अशे वेधशाळेन कळीत केला